Aakashwani Panaji Regional news 7 march 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन गुजरात आनी संघराज्य दादरा आनी नगर हवेली आनी दमन आनी दीयू हांगा दोन दिसांचा भेतिर आस्तले. ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी गुजरातांतल्या सूरत आनी नवसारी आनी दमनांतल्या सिल्वासा हांगा वेगवेगळ्या कार्यावळींक हाजीर रावपाचे आसात. प्रधानमंत्री आयज सकाळीं दादरा आनी नगर हवेली आनी दमन आनी दीयूक भेट दितले आनी दमन दिऊ आनी दादरा नगर हवेली हांगाच्या सिल्वासांत 2,587 कोटी रुपयांच्या वेगवेगळ्या प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्याद फातर घालतले. ते सिलवासा हांगा भौशीक बसकेंतय मर्ग्दर्शन करतले. उपरांत प्रधानमंत्री सूरतात अन्न सुरक्षा संतृप्ती मोहीम सुरू करतले. सुरतांतल्या सुमार 2 लाख लावार्थ्यांक प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणे खाला फायदे मेळटले. फाल्यां आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान प्रधन्मंत्रि मोदी नवसारींतल्या ‘लखपती दीदी सम्मेलनाक’ हाजीर रावपाचे आसात. प्रधानमंत्री 25 हजारां परस चड आप मजत गटांतल्यान 2.5 लाख बायलांक 450 कोटी रुपया वयर मजत दितले

---

गोयात पशुवैजकिय सहय्याकच्यो सुवातो कंत्राति पद्ध्तिन भरतले  तशेच गोंयात कंपनीनी वा हेर  भरती खातीर जायरात दीतना रोजगार विनीमय केंद्राक म्हायती दींवक ना जाल्यार 5 ते 30 हजार रूपया दंड दीवपाचो निर्णय आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला.गोंयकारांक खाजगी मळार रोजगाराची संद मेळपाक जाय ह्या हेतान हो निर्णय घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.ते मंत्रीमंडळाच्या बसके उपरांत मंत्रालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले. हे शिवाय म्हापसा अर्बन कोपरेटीव्ह बँकेची म्हापसा आशील्ली नंदादीप ही बील्डींग गोय सरकार 25 कोटी रूपयांक घेवपाचो निर्णय

आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला. गोंय धर्मिक महोत्सवाखातीर देड कोटी रूपया, तशेच संट फ्रान्सीस झेवीयर एक्सपोझिशनाखातीर अयाल्ल्या 5 कोटी रूपया खर्चाक मंजुरी,पणजो रूआ- दे -ओरेम करवेन्शन सेंटराच्या लीजाक मंजुरी,आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत मंजुरी दील्या. पर्वरेच्या देव खाप्रेश्वरराचे मंदीर सरकार बांदुन दीतले,देवळाच्या समितीन देवळाखातीर नवीन सुवात सोदुन दीतकच देऊळ बांदपाचे काम सुरू जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या

---

संवसारीक ऑडियोव्हिज्युअल मनरिजवण शखर परिशद (WAVES) 2025 नवोदित डीजे, निर्माते आनी इलेक्ट्रॉनीक संगीत कलाकारांक इलेक्ट्रॉनीक संगीत आनी डीजे कलेच्या मळार आपली प्रतिभा दाखोवपाची संद दिता. भारतीय संगीत उद्देगाच्या (आयएमआय) सहकार्यान म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालय (आय अँड बी) 'रेझोनेट: द ईडीएम चॅलेंज' ही सर्त घडोवन हाडल्या. ह्या सर्तिचो हेतु क्रिएट इन इंडिया चॅलेंजाचो एक भाग म्हूण घडोवन सृजनशील प्रतिभा आनी नवनिर्माण दृश्य-श्रव्य आनी मनरिजवणेच्या संवसारांत उक्ती करपाचोआसा. इलॅक्ट्रॉनीक डान्स म्युझिक (ईडीएम) रचपाचो आनी निर्मितीचो आदलो अणभव आशिल्ल्या खंयच्याय देशांतल्या कलाकारांक, संगीतकारांक, आनी कलाकारांक ही सर्त उक्ती आसा. संगीत संलयन, इलॅक्ट्रॉनीक संगीत आनी डीजे कलाकार खातीर संवसारीक केंद्र म्हूण भारताची वळख घटमूट करपाचो हे सर्तीचो हेत आसा.

---

ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतवंत लेखक, पद्मभूषण सर्गेस्त रवीन्द्र केळेकार हांच्या जल्मशताद्बी वर्सानिमतान आयज मडगावच्या रवीन्द्र भवनात खाशेली कार्यावळ घडोवन हाडिल्ली असून ही कार्यावळ सध्या चालू आसा. ह्या कार्यावळीक साहित्य आनी समाज मळावयल्या नामनेच्या मानेस्तांचो वांटो आसा. ह्यावेळार उलयताना नामनेच्यो साहित्यीक किरण बुडकुले हांणी रवीन्द्रबाबांच्या वेगवेगळ्या गुणांचेर उजवाड घालताना रवीन्द्रबाब हांणी खऱ्या अर्थान रायटर आनी फायटर ह्यो दोन्ही भूमिका

तितल्याच ताकदीन निभायल्यात असे सांगलें.रवीन्द्र केळेकार हांचे साहित्य आनी चळवळींतले कार्य हेविशीं दिलीप बोरकार हांणी तयार केल्ल्या ‘ज्ञानयोगी’ ह्या म्हायतीपटाचे आयज प्रदर्शन जाले.